22.04.2026 6.30 pm

Pahalgam

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी पहलगाम दहशतवादी हल्ल्याच्या पयल्या वर्षपूर्तीनिमित्त पीडितांक श्रद्धांजली ओपली. एका सोशल मीडिया पोस्टत राष्ट्रपतीनी म्हणला की, त्या घृणास्पद कृत्यात निष्पाप जीवांचे जाले दुःखद नुकसान आमच्या सामूहिक स्मृतीत कायमचे कोरला . राष्ट्रपतींनी अधोरेखित केले की, देश सगळीकडे आनी सगळ्या तरेच्या दहशतवादाचो पराभव करपाच्या निर्धारात दृढ आसा.

पीएम

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी म्हळा की, देश खंयच्याच प्रकारच्या दहशतवादा मुखार केन्नाच झुकचोना आणि दहशतवाद्यांचे घृणास्पद कार्य केन्नाच यशस्वी जावचीना. भारत दुःखात आणि दृढनिश्चयात एकजूट आसा . संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आणि गृहमंत्री अमित शाह हाणी म्हणाले की,दहशतवाद हो मानवतेचो सगळ्यात व्हड दुस्मान आणि त्यांनी नागरिकांक त्याच्या विरोधात उभे रावपाचे आवाहन केले. परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आणि केंद्रीय माहिती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणीय ह्या दहशतवादी हल्ल्यात प्राण वगडायील्या पीडिताक श्रद्धांजली ओपली

अमित

आयज आमी संवसारीक धरतरी दीस मनयतात. हो दिस धर्तरेकडेन आशिल्लें आमचें कर्तव्य नदरेक हाडून दिता. जानेवारी 2020 वर्सा MHN आमच्या capf वरवीं देशभरांत मळ्यांची मोहीम हातांत घेवपाचें थारायलें हें सांगपाक उमेद जाता. ह्या मिशनांतल्यान सगळ्या 7 सीएपीएफांनी वट्ट 9.69 लाख कर्मचाऱ्यांच्या बळग्यान फाटल्या स वर्सांत 7 कोटी रोपां लायलीं, जाका लागून पृथ्वी काय प्रमाणात तरी पाचवी जाल्या. आयज आमी संवसारीक पृथ्वी दीस मनयतात. जानेवारी 2020 वर्सा एमएचएन-आमच्या सीएपीएफ वरवीं देशभरांत मळ्यांची मोहीम सुरू केली. धर्तरेकडेन अशील्ले आमचें कर्तव्य पाळूया अशे गृह मंत्री अमित शाह हाणी म्हणला

खरगे

काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हानच्याबद्दल केल्या कथित अपमानजनक वक्तव्याच्या निषेधार्थ, भाजपची जेश्ठ फुडारी निर्मला सीतारामन, किरेन रिजिजू, अर्जुन राम मेघवाल आणि अरुण सिंह हांच्या सयत एका शिष्टमंडळान आज वेचणूक आयोगाची भेट घेतली. शिष्टमंडळान आयोगाकडे कडक कारवाईची मागणी केली आणि काँग्रेस अध्यक्षांक हे विशी देशाची माफी मागपाक सांगले. बसके उपरांत प्रसार माध्यमांकडे उलयताना  रिजिजू हाणी म्हणाले की,शिष्टमंडळान आयोगाक सांगला की, देशातलो खंयचोच राजकीय पक्ष अशी भाषा वापरता तर ते लोकशाही विरोधातले एक घृणास्पद कृत्य आसा आणि ते कितलेशय तरेन लोकशाहीक दुबळे करता. शिष्टमंडळान मल्लिकार्जुन खर्गेचेर कडक कारवाय करपाची मागणी केली आनी  वेचणूक आयोगान योग्य ती कारवाय करपाचे आश्वासन दिले अशे तांणी सांगले.

मजगती भाजप फुडारी आनी अर्थ मंत्री निर्मला सीतारामन हाणी म्हणले की, काँग्रेस पक्षाच्या अध्यक्षांसारख्या महत्त्वाच्या व्यक्तीन अशा निंदनीय शब्दांत वक्तव्य केल्याचे शिष्टमंडळान आयोगाच्या नि/दर्शनाक हाडले..काँग्रेसीन प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या विरोधात परत परत अपमानास्पद भाषा वापरपाचो एक नमुनोच दाखयला अशे ताणी म्हळे

Announcement

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. संपादकीय सहाय्यक, वृत्तवाचक, सीजी ऑपरेटर पदा खातीर इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात तशेच आकाशवाणी पणजी न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर नैमितिक पदा खातीर तात्पुत्या करारा खातीर अर्ज मागयता. अर्ज करपाक निमणी तारीख 17 मे आसा

Imd

भारतीय हवामान खात्यानं फुडलें दोन दिसांत दिल्लीत  उष्णतायेच्या ल्हारांची शक्यता उक्तायला आनि  'यलो अलर्ट' जारी केला. हवामान विभागान हरियाणा, चंदीगड, पंजाब,

उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश आणि छत्तीसगड या राज्यांनूय फुडल्या पुढील दोन दिसांत उष्णतायेच्या ल्हारांची परीस्थिती निर्माणजातली असो अदमास उक्तायला .

<u>स्पोर्ट्स</u>

भारत आणि दक्षिण आफ्रिका मदल्या पाच खेळा माळेतलो तिसरो टी-२० आंतरराष्ट्रीय खेळ आज राती जोहान्सबर्गात राती साडे/णवाक सुरू जातलो

आनी इत्ल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ वरा चाळीस mintancher. नमस्कार